# कर्मचारी राज्य विमो म्हामंडळ

# श्रम आनी रोजगार मंत्रालय, भारत सरकाराचे

# नागरीक/गिरायक घोशणापत्र

**पत्तोः- ई.ऍस.आय. म्हामंडळ, पंचदीप भवन,**

**सी.आय.जी. रस्तो, नवी दिल्ली-110002**

**संकेतथळः- www.esic.nic.in**

**जारी करपाची तारीखः- एप्रील, 2022**

**फुडलो नियाळ- एप्रील, 2023**

## पंचदीप लक्ष्य

**प्रतिबद्द आसातः**

- देशांत संगठीत क्षेत्रांतल्या कामगारांक भलायकी आनी सामाजीक सुरक्षा व्याप्ती पुरवण करपाच्या हेतून.

## ध्येय

- विमाकृत व्यक्तींक दर्जेदार भलायकी आनी समाजीक सुरक्षा सेवा पुरवण करपाची  खात्री करप.
- ई.ऍस.आय येवजणेचो देशांत नवी सुवात आनी रोजगार क्षेत्रांचो विस्तार करप.
- सगळ्या भागधारकां मदीं ई.ऍस.आय येवजणे विशीं जागृताय निर्माण करप.

| अनु. क्र. | सेवां/ वेव्हार* | म्हत्व % | जबाबदार व्यक्ती | ई-मेल | दूरभास | प्रक्रिया | गरजेचे दस्तावेज | शुल्क |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|

## मुख्य सेवां/ वेव्हार

| | | | | | | | | श्रेणी | साधन | रकम |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| 1 | वैजकी सुविधा | 40 | वैजकी आयुक्त | mc-medadmin@esic.nic.in | 011-23231204 | ऑनलायन | प्रत्यक्ष उपस्थिती | - | - | - |
| 2 | अहवाला खाला बिगर-कव्हरेज, बिगर-अनुपालन | 20 | विमो आयुक्त (महसूल) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | युनिट्स/कर्मचाऱ्यांचें ऑनलायन नोंदणीकरण, अनुपालन करूंक नाशिल्ल्यांन डिफॉल्टर कारवाय | प्रतिनिधित्व/कागाळी/ डिफॉल्टरांची वळेरी | - | - | - |
| 3 | वैजकी प्रतिपुर्ती | 16 | वैजकी आयुक्त | mc-medadmin@esic.nic.in | 011-23231204 | ऑनलायन | दावो | - | - | - |
| 4 | रोख लाव | 24 | विमो आयुक्त (महसूल) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | | | - | - | - |
| | **अनु. क्र.** \| **लाव** | | | | | | | | | |
| | 1 \| दुयेंत | 2 | | | | ऑनलायन | वैजकी प्रमाणपत्र<br>आरऍम-1<br>बँक खातें तपशिलां सयत सगळ्या प्रकारांतल्यान पुराय दावो | - | - | - |
| | 2 \| विस्तारीत दुयेंस | 3 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | वैजकी प्रमाणपत्र<br>ऍमआर सल्लो/ वैजकी बोर्ड सल्लो | - | - | - |

| | | | | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | | | | | | | | बँक खातें तपशिलां सयत सगळे प्रकारांतल्यान पुराय दावो | | | |
| | 3 | वाडिल्लें दुयेंस | 1 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | वैजकी प्रमाणपत्र<br>बँक खातें तपशिलां सयत सगळ्या प्रकारांतल्यान पुराय दावो | - | - | - |
| | 4 | मातृत्व | 5 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | वैजकी प्रमाणपत्र<br>अनुपस्थिती पडताळणी अहवाल<br>बँक खातें तपशिलां सयत सगळे प्रकारांतल्यान पुराय दावो | | | |
| | 5 | दिव्यांगत्व | 2 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | अपघात अहवाल<br>सगळे गरजेचे दस्तावेज म्हणल्यार ऍफ.आय.आर. (लागू आसल्यार) आनी हेर<br>वैजकी प्रमाणपत्र/उपचार दस्तावेज वैजकी मंडळ दिव्यांगत्व मूल्यांकन<br>बँक खातें तपशिलां | | | |

| | | | | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | | | | | | | | सयत सगळ्या प्रकारांतल्यान पुराय दावो | | | |
| | 6 | अवलंबीत | 3 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | अपघात अहवाल | - | - | - |
| | | | | | | | | गरजेचे दस्तावेजा सयत अन्वेशण अहवाल | | | |
| | | | | | | | | अवलंबितांच्या बँक खातें क्रमांका सयत सगळ्या बाबतींतल्यान पुराय दावो. | | | |
| | 7 | राजीव गांधी श्रमीक कल्याण योजना (बेरोजगारी भत्तो) | 2 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | बंदी/छांटणी/ स्थायी अमान्यता गैर – रोजगार इंजरी प्रमाणपत्राच्या कारणान 40% परस कमी आसूंक जायना. | | | |
| | | | | | | | | आय.डी. अधिनेमाच्या प्रमाणें नियोक्ता प्रमाणपत्र/जिवन प्रमाणपत्र | | | |
| | | | | | | | | बँक खातें तपशिलां सयत सगळ्या प्रकारांतल्यान पुराय दावो | | | |
| | | | | | | | | | | | |

| | | | | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | 8 | निमण्या संस्काराचो खर्च | 2 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | मरणाचो दाखलो<br>बँक खातें तपशिला सयत कुटुंबांतल्या जिवंत सदस्या कडल्यान वा खर्चाच्या वास्तवीक रुपान पात्र आशिल्ल्या व्यक्तीचो सगळ्या प्रकारांतल्यान पुराय दावो | - | - | - |
| | 9 | प्रसुती खर्च | 2 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | आयडब्ल्यू/आयपी वरवीं स्वताच्या वा ताच्या बायलेच्या संदर्भांत योग्य फॉर्मांत बँक खात्याच्या तपशिला सयत सगळ्या बाबतींत पुराय दावो | | | |
| | 10 | अटल बिमीत व्यक्ती कल्याण योजना | 1 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | आयपी/ आयडब्ल्यू वरवीं निर्धारीत विहीत फॉर्मांत दावो (एबी-1). बँक खातें तपशिलां सयत नियोक्त्यां कडल्यान फॉर्म एबी-2. ( कोरोना काळां खातीर हे अटी शिथील आसात) | | | |

| | | | | | | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | 11 | ईऍसआयसी'' कोवीड-19 आदार योजना | 1 | विमो आयुक्त (लाव) | ic-revenue@esic.nic.in | 011-23237294 | ऑनलायन | बँक खातें तपशिला सयत विहीत फॉर्म (सीआरऍस । आनी ॥)त अवलंबिता कडल्यान दावो.<br><br>(अट- आयपी/ आयडब्ल्यू कोवीड-19 च्या कारणान मरण आयलें) | | | |

## सेवा मानक

| अनु.क्र. | सेवा/ वेव्हार | म्हत्व | यशाचे सुचक | सेवा मानक | युनिट | डेटा स्त्रोत |
|---|---|---|---|---|---|---|
| 1 | वैजकी सुविधा | 40 | 30 दीस | 30 दीस | दीस | 1. सीपीजीआरएऍम आनी www.esic.nic.in<br>2. आमच्या संकेतथळार www.esic.nic.in भौशीक |
| 2 | अहवाला खाला बिगर-कव्हरेज, बिगर- अनुपालन | 20 | 31 दीस | 31 दीस | दीस | |
| 3 | वैजकी प्रतिपुर्ती | 16 | 60 दीस | 60 दीस | दीस | |

| **4** | **रोख लाव** | | **24** | **दिसांची संख्या** | **दीस** | **दीस** | गाराणी लिंक उपलब्ध आसा.<br>3. टोल फ्री क्रमांक. (24X7) 1800112526 (सामान्य उद्देशा खातीर)<br>1. ई-मेल-<br>(i)pg-hqrs@esic.nic.in (भौशीक कागाळी खातीर)<br>(ii)itcare@ESIC.NIC.IN (आयटी संबंदीं प्रस्नांचेर नियोक्तांच्या कागाळी खातीर) |
|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | 1 | दुयेंत | 2 | 7 दीस | 7 दीस | दीस | |
| | 2 | विस्तारीत दुयेंस | 3 | 7 दीस | 7 दीस | दीस | |
| | 3 | वाडिल्लें दुयेंस | 1 | 7 दीस | 7 दीस | दीस | |
| | 4 | मातृत्व | 5 | 14 दीस | 14 दीस | दीस | |
| | 5 | दिव्यांगत्व | 2 | 30 दीस | 30 दीस | दीस | |
| | 6 | अवलंबीत | 3 | 90 दीस | 90 दीस | दीस | |
| | 7 | बेरोजगार भत्तो | 2 | 30 दीस | 30 दीस | दीस | |
| | 8 | निमणें संस्कार | 2 | 1 दीस | 1 दीस | दीस | |
| | 9 | प्रसुती खर्च | 2 | 1 दीस | 1 दीस | दीस | |
| | 10 | अटल बिमीत व्यक्ती कल्याण योजना | 1 | 15 दीस | 15 दीस | दीस | |
| | 11 | ईऍसआयसी “कोवीड-19 आदार योजना” | 1 | 15 | 15 | दीस | |

## कागाळ निवारण तंत्र

ह्या विभागांत सकयल दिल्ल्या गजालींची माहिती आसूंक जायः

| अनु. क्र. | भौशीक कागाळी अधिकाऱ्याचें नांव | हॅल्पलायन क्रमांक | ई-मेल | मोबोयल क्रमांक |
|---|---|---|---|---|
| 1 | श्री. ऍल जमीर, विमो आयुक्त | 011-23235778 | i.jamir@esic.nic.in | 7086059333 |
| 2 | श्री. काशी प्रसाद पांडे, उप-संचालक | 011-23235781 | Kasha.pandey@esic.nic.in | 7895999696 |
| 3 | श्री. विकास सांगवान, सहाय्यक संचालक | 011-23231354 | vikas.sangwan@esic.nic.in | 9999719004 |

1. सीपीजीआरएऍमऍस आनी www.esic.nic.in
2. आमच्या संकेतथळार www.esic.nic.in भौशीक गाराणी लिंक उपलब्ध आसा.
3. टोल फ्री क्रमांक. (24X7)

   1800112526  (सामान्य उद्देशा खातीर)

4. ई-मेल-

   (i)pg-hqrs@esic.nic.in (भौशीक कागाळी खातीर),

   (ii)itcare@ESIC.NIC.IN (आयटी संबंदीं प्रस्नांचेर नियोक्तांच्या कागाळी खातीर)

**वॅबलिंकः http://www.esic.in**

**‘सेवा’ पर्याया खाला ‘कागाळ निवारण’ वेंचचे.**

**मुख्यालयांत भौशीक कागाळ निवारण प्रणाली**

- वरिश्ठ अधिकारी भौशीक कागाळ सॅलाची देखरेख करतात.

- ईएॅसआयसीच्या नियंत्रणा खाला आशिल्ल्या सगळ्या कार्यालयांच्या कागाळी निवारण यंत्रणेचें निरिक्षण करता.
- कागाळीचें रोखडेंच आनी प्रभावी निवारणाची खात्री करपा खातीर सगळ्या क्षेत्रीय कार्यालयां आनी हॉस्पिटलांत भौशीक कागाळ अधिकाऱ्यांची नियुक्ती केल्या.
- कागाळी बेगोबेग निवळावपा खातीर इएॅसआयसी मुख्यालया कडल्यान वेळवेळार मार्गदर्शक तत्वां जारी करतात.

**केंद्रीकृत भौशीक कागाळ निवारण आनी देखरेख प्रणाली (सीपीजीआरएएॅमएॅस)**

- भौशीक कागाळ पोर्टल, भारत सरकाराच्या माध्यमांतल्यान ईएॅसआयसी कडेन संबदीत ऑनलायन कागाळी प्राप्त करता.
- भौशीक कागाळ सॅल ईएॅसआयसी मुख्यालया वरवीं तपशिलवार मानक कार्यप्रणाली (एॅसओपी) तयार केल्यात आनी ईएॅसआयसी कार्यालयां वरवीं सीपीजीआरएएॅमएॅस, ई-मेल आनी हेर वेगवेगळ्या माध्यमां वरवीं प्राप्त जाल्ल्या भौशीक कागाळींचे निवारण करपा खातीर 08.12.2020 दिसा जारी केला.
- भौशीक कागाळ संचालनालय, श्रम आनी रोजगार मंत्रालय आनी प्रधानमंत्री कार्यालयांतल्यान प्राप्त कागाळींचे निरिक्षण लेगीत करता.

**सुविधा समागम**

- लाभार्थ्यांच्या भौशीक कागाळीचें त्याच वेळार निवारण करतले.

- दरेका म्हयन्याच्या  दुसऱ्या बुधवाराक (ए.ऍन), ईऍसआयसीचे आरओ/ऍसआरओ आनी डीसीबीओऍस/बीओ दर म्हयन्याच्या दुसऱ्या शुक्राराक बसका घेतले.
- त्याच परिसर/गांव/शारांतले ईऍसआयसी/ ईऍसआयसी हॉस्पिटलाच्या ऍमऍसान आरओ/ऍसआरओतल्या सुविधा समागमाक हाजीर रावप गरजेचें आसा.
- आरओ/ऍसआरओ कडल्यान पयस आशिल्ल्या वेगवेगळ्या शारांत/नगरांत आशिल्ल्या ऍमऍसाक सुविधा समागम हॉस्पिटल स्तराचेर आयोजीत करपाचे आदेश दिल्यात.

**<u>सुविधा केंद्र</u>**

- योजनेच्या लाभार्थ्यां कडेन संवाद सादपा खातीर म्हामंडळान सगळ्या प्रादेशीक कार्यालयांनी, उप-प्रादेशीक कार्यालयांनी, ईऍसआयसी हॉस्पिटलांत आनी मॉडेल हॉस्पिटलांनी सुविधा केंद्रां उक्तीं केल्यात.

## <u>सेवा प्राप्तकर्ता कडल्यान कांय वेगवेगळे तरतुदी सांकेतीक अपेक्षा</u>

- **कांय प्रकरणांत लाव घेवापक अपात्र**

एकाद्री व्यक्ती जी खंयच्याय दिसा काम करून  मजुरी घेता, जाल्यार ताका त्या दिसाच्या संदर्भांत दुयेंतपणाचो लाव (ऍसबी) वा मातृत्व लाव (ऍमबी) वा तात्पुरतो दिव्यांग लाव (टीडीबी) मेळोवपाक तो पात्र ना.

दुयेंतपणाचो लाव वा तात्पुरतो दिव्यांग लाव प्राप्त करप्यान वैजकीय उपचार चालू दवरून आपल्या विमो वैजकीय अधिकाऱ्यान दिल्ल्या सुचोवण्यांचे पालन करप गरजेचें आसा. ताणें आपल्या वैजकीय अधिकाऱ्याच्या परवानगी शिवाय

उपचाराचें क्षेत्र सोडचें न्हय आनी वैजकीय अधिकारी वा म्हामंडळान अधिकृत केल्या हेर खंयच्याय व्यक्तीच्या तपासणी खातीर स्वता हाजीर रावचें.

**लाव घेवपाच्या अधिकारांचे संरक्षण करपः**

कर्मचारी, राज्य विमो अधिनेमाच्या अंतर्गत देय रोख लाव खंयच्याय न्यायालयीन डिक्री वा आदेशाच्या अंमलबजावणी खातीर संलग्न वा विक्री खातीर जापसालदार आसचो ना. तशेंच, खंयचोय लाव प्राप्त करपाचो अधिकार हस्तांतरणीय वा समनुदेशनीय ना.

**बडतर्फ करप, डिस्चार्ज वा हेर ख्यास्तिंतल्यान संरक्षणः**

कर्मचाऱ्याक सकयल दिल्ल्या काळांत बडतर्फ करप, डिस्चार्ज वा हेर ख्यास्त दिवपा पासून संरक्षण मेळटाः-

1. दिव्यांगत्व लाव मेळोवपी मनशाक 6 म्हयन्यांचो काळ;
2. गुरवारपणाक लागून वा बंदखणीक लागून कर्मचाऱ्याक दुयेंस वा प्रमाणीत दुयेंस जाल्ल्यान वैजकी उपचार घेतल्याक 6 म्हयन्यांचो काळ
3. क्षयरोग, कुश्ठरोग, मानसीक, घातक वा हेर विशेश 34 रोगांतल्या खंयच्याय रोगाचो वैजकी उपचार घेवपी कर्मचाऱ्याक 12 म्हयन्यांचो काळ.

**न्याय निवाडो यंत्रणाः**

कर्मचारी विमो न्यायालयांत दावेदारांचे अधिकार प्रभावी करपा खातीर दरेका दावेदाराक वाद मांडपाचो अधिकार आसा. राज्य सरकारान नेमिल्लो न्यायीक अधिकारी ताचें फुडारपण करता. अश्या सगळ्या प्रकरणांत दिवाणी न्यायालयाच्या अधिकारक्षेत्राचेर बंदी आसा.

**लाव घेतिल्ल्या फारीकणीची परतफेड आनी वसुलीः**

जर एखाद्या व्यक्तीक असो कसलोय लाव मेळ्ळा जाचो तो कायदेशीर रितीन हक्कदार ना, जाल्यार तो अश्या खंयच्याय लावाचें मोल म्हामंडळाक परत करपाक जापसालदार आसा.

**खोट्या विधानाची ख्यास्त, आनी हेरः-**

चुकीच्या पद्दतीन फायदो मेळोवपाच्या उद्देशान केल्ले खंयचेय खोटें विधान वा खोटें प्रतिनिधित्व, वा हेर, कर्मचारी राज्य विमो कायद्या अंतर्गत गुन्यांव थारता, ताका तीन म्हयन्यां मेरेन बंदखणीची ख्यास्त वा 500 रुपया दंड वा दोनूय जांव येता.

**<u>बऱ्या आनी जलद सेवां खातीर</u>**

**उपकार करून लक्षांत दवरात –**

- पहचान कार्ड/ ई- पहचान कार्ड हो तुमचो समाजीक सुरक्षे खातीर व्हिसा आसा; शेणप वा लुकसाण जावपा पासत ताचें संरक्षण करात.
- पहचान कार्ड/ समाजीक सुरक्षा कार्ड शेणल्यार, तुमची शाखा कार्यालय/ वखदालयाक हाचे विशीं कळोवचें.
- आतां विमोधारकाची विमा संख्या पुराय देशभर पोर्टेबल जाल्या.
- जर तुमी नोकरींत रुजू जाता/ नोकरी बदलता आनी पयलींच कर्मचारी राज्य विमो नोंदणी केल्यार उपकार करून तुमच्या नव्या नियोक्त्याक हे संबंदीत कळीत करचें.
- कांय लाव तुमच्या योगदानाच्या अवधीचेर आदारीत आसतात. म्हूण, रोजगार बदलल्यार, विद्यमान ईएँसआयसी विमो क्रमांका सयत स्वताची नोंदणी केल्यार, तुमकां अशा वाडीव/ योगदाना संबंदीत लाव मेळटले.
- ईएँसआयक भेट दितना सदांच तुमचें पहचान कार्ड/ई-पहचान कार्ड, भलायकी पास बूक आनी /वा संगणकान तयार केल्ली ओपीडी स्लीप व्हरची.
- तुमचो टीडीबी सोंपतकूच रोखडोच वैजकी मंडळाक तपासणी खातीर अर्ज करचो.
- आपत्कालीन स्थिती सोडल्यार उपचारा खातीर रॅफरल प्रक्रिया पाळची.

- तुमची कागाळ आसल्यार, त्वरीत निवारणा खातीर तुमी संलग्न आशिल्ल्या शाखा कार्यालय वेवस्थापक/ दवाखानो प्रभारी कडेन संपर्क सादचो. हाचे भायर म्हयन्याच्या दर थारावीक दिसा सुविधा समागम ही संकल्पना ईएॅसआयसीच्या सगळ्या कार्यालयांनी सुरू केल्या.
- ईएॅसआयच्या कर्मचाऱ्यां कडेन शिश्टताय दवरात आनी सदांच तांचे कडल्यान सहकार्याची अपेक्षा करात.

## <u>तुमकां मजत करपाक आमकां सहयोग करात</u>

**उपकार करून:**

- वैजकी सुविधा आनी हेरा खातीर तुमच्या कुटुंबीक तपशिलांत खंयचेय अपात्र व्यक्तीक जोडूं नाकात.
- तुमचें पहचान कार्ड/ ई-पहचान कार्ड आनी भलायकी पासबूक विकृत वा तातूंत  छेडछाड करची न्हय.
- खंयचोय लाव मेळोवपा खातीर खोटें दुयेंस वा दुखापतीचें निमित्त करचें न्हय.
- तुमचें पहचान कार्ड/ ई-पहचान कार्ड आनी कोणाक दिवचें न्हय.
- चुकीचें प्रमाणीकरण आनी हेरा खातीर तुमच्या दोतोराचेर दबाव हाडूं नाकात.
- ईएॅसआयसी कडल्यान कसल्याच फावरा खातीर दलालां कडेन वचूं नाकात.
- ईएॅसआयसीच्या कसल्याच फॉर्मा खातीर पयशे दिवंक नाकात. शाखा कार्यालय ती निःशुल्क  पुरवणी करतात.
- जल्म/मरण हाचे विशीं घोशणा करतना कुटुंबाच्या वांगड्याची जोडणी/वगळावणी करपाक विसरूंक नाकात

- तुमच्या नियोक्तान विधिवत सय केल्लें फॉर्म 105 भायर भोंवडी करतना व्हरपाक विसरचें न्हय. हाचे वरवीं तुमी ईएॅसआय सेवा खंयसरूय प्राप्त करूंक शकतात.

**<u>ईएॅसआयसी तुमचें विश्वस्त आसा-ताचेर सदांच विश्वास दवरात</u>**

**लक्षांत दवरपाचे मुद्देः**

- दोतोराच्या सुचोवण्यांचें बरे तरेन पालन करचें.
- दोतोरान विहीत केल्लें प्रमाणें उपचार चालू दवरचे.
- नियुक्त वेळ आनी तारखेर वैजकी निर्देशी समक्ष उपस्थीत रावपाक विसरचें न्हय.
- तुमचें कार्य करपाक तुमी असमर्थ आसतले तेन्नाच वैजकी प्रमाणपत्र प्राप्त करपाक जाय.
- ईएॅसआयसी लाव प्राप्त करतना फॉर्मांत तपशील आनी तारखो सारक्यो बरोवच्यो आनी चुकीची घोशणा करची न्हय.
- तुमकां कसलेय दुबाव आसल्यार वा स्पश्टीकरणाची आवश्यकता आसल्यार, तुमी तुमच्या वेवस्थापक वा वखदालय प्रभारी

कडेन संपर्क सादचो.

<u>**नियोक्तांक लाव**</u>

**जो नियोक्ता ईएँसआय अधिनेम 1948, च्या कार्यक्षेत्रा अंतर्गत येता, तो सकयल दिल्ले प्रमाणें येवजणे अंतर्गत लाव प्राप्त करपाक शकताः-**

- जो मेरेन त्या नियोक्त्याची संविदात्मक बादा येना, तो मेरेन नियोक्ता, वस्तू वा स्थायी रोख भत्त्याच्या रुपान, प्रतिपुर्ती वा

वास्तवीक खर्च, एकरकमी अनुदान वा सिमीत श्रेणीच्या खंयच्याय हेर वैजकी विमो धोरणाचो पर्याय सोदून कर्मचारी तशेंच

तांचेर निंबून आशिल्ल्यांक वैजकी सुविधा दिवपाच्या आपल्या सगळ्या जापसालदारकेंतल्यान मेकळो जाता.

- नियोक्त्याक सकयल दिल्ले प्रमाणें अनुप्रयोज्यतेंतल्यान सूट मेळटा:
  - प्रस‍ुती लाव अधिनेम.
  - ईऍसआय येवजणे अंतर्गत व्याप्त कर्मचारी संबंदीत कर्मचारी लुकसाण भरपाय अधिनेम.
- नियोक्तांच्या अधिकारांत (डिस्पोसल), बऱ्या उत्पादना खातीर उत्पादक, बरें सुरक्षीत कार्यबळ आवश्यक संघटक आसात.
- कामगारांचे शारिरीक कश्ट जशे, दुयेंस, रोजगार हानी वा शारिरीक निःशक्ततेक लागून जाल्ल्या कामगाराच्या हानीच्या

  वेळार नियोक्ता खंयच्याय दायित्वातल्यान मेकळो जाता, कारण विमोकृत कर्मचाऱ्या संदर्भांत रोख फायदे दिवपाची जापसालदारकी म्हामंडळा कडेन वता.

**खासगी क्षेत्रांत दिव्यांगांक रोजगार दिवपी नियोक्तांक प्रोत्साहन**

श्रम आनी रोजगार मंत्रालयाची राजपत्र अधिसुचोवणी क्रमांक ऍस-38025/2/2008-ऍसऍस.आय तारीख 31.03.2008 वरवीं खासगी क्षेत्रांत दिव्यांगांक रोजगार दिवपी नियोक्तां खातीर प्रोत्साहन येवजण तारीख 01.04.2008 सावन लागू आसा, जी भारताचो असादारण भाग II, कलम 3 उप-कलम (1) त प्रकाशीत जाल्ली. जे दिव्यांग तारीख 01.04.2008 वा ताचे उपरांत नियोजीत जाल्ले रू. **25,000/-** मेरेन म्हयन्याचो पगार मेळयता, ह्या येवजणे अंतर्गत व्याप्त आसा तशेंच ताच्या संदर्भांत सरकारा वरवीं तीन वर्सां खातीर नियोक्ताच्या अंशदानाचो भाग फारीक करतले.

## नियोक्तातंची भुमिका

- ईऍसआय अधिनेम लागू जाले उपरांत नियोक्तान आपले कारखाने/ आस्थापनाची नोंदणी रोखडीच करपाक जाय. नियोक्ता आपल्या युनिटाची नोंदणी सकयल दिल्ल्या माध्यमांतल्यान करूंक शकताः-
  - ईऍसआय वॅब पोर्टल- www.esic.nic.in
  - श्रम सुविधा पोर्टल
  - कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्रालय पोर्टलाच्या माध्यमांतल्यान नोंदणीकृत जाल्ल्यो नव्यो कम्पनी.
  - ईऍसआयसीच्या विभिन्न कार्यालयां वांगडा सगळ्या ईऍसआयसी फॉर्म दस्तावेज आनी पत्रवेव्हारांत नियोक्ताच्या

    कोड नंबराचो वापर करचो.
- नियोक्त्यान ताच्या/तिच्या कर्मचाऱ्याची घोशणा फॉर्मांत रोजगारांत घेवचे पयलीं ताच्या/ तिच्या कर्मचाऱ्याचो योग्य

तपशील मेळोवपाचो (जो मेरेन हो कर्मचारी ईऍसआयसींत आदीं नोंदणू केल्लो ना) आनी ताचेर कर्मचाऱ्याची सय मेळोवची असो सल्लो दितात. उपरांत तांणी ही माहिती ऑनलायन घोशणा पत्रांत भरची आनी ईऍसआयसी अधिनेमा अंतर्गत त्वरीत ताचे/ तिच्या कर्मचाऱ्याची नोंदणी करची.

- कामगार / मनीसबळ पुरवण करपी एजन्सींच्या बाबतींत, नियोक्त्यांनी स म्हयन्यां खातीर आगाऊ योगदानाचें चलन ईऍसआयसी वॅब पोर्टला वरवीं बँकेंत जमा करूंक जाय.

- पगारांतलो ईऍसआय अंशदान (नियोक्त्याचो वाटो @3.25% (01.07.2019 सावन) आनी कर्मचाऱ्यांचो वांटो @0.75%

  01.07.2019 सावन) फुडल्या म्हयन्याच्या पंदरा दिसां भितर, ज्या म्हयन्यान पगार दिवपाचो आसलो तो पगार दिवचो.

- कर्मचारी विमो क्रमांक एकदां दिल्या उपरांत, कर्मचाऱ्याच्या आयुश्यभरा खातीर वैध आसता. ताणे सुवात बदलली वा

  नोकरी बदलल्यार ताका परतून नोंदणी करपाची गरज ना.

**<u>नियोक्तान केन्ना किदें करूंक जाय</u>**

**विमोकृत कर्मचाऱ्यांक ईएँसआय लावाच्या सुगम प्रवाहाची खात्री करपा खातीर**

- सगळ्या संबंदीत माहिती सयत, कर्मचाऱ्यांची ऑनलायन नोंदणी नेमणुके उपरांत योग्य रितीन आनी त्वरीत करूंक शकता.

- तात्पुरत्या पहचान प्रमाणपत्राची (ई- पहचान कार्ड) प्रिण्ट आवट कर्मचाऱ्यांक दिवंक जाय जाका लागून ते रोजगाराच्या

  पयल्याच दिसा ईएॅसआयचे लाव मेळोवंक शकतले.

- खंयचेय पहचान प्रमाणपत्र / पहचान कार्ड नासल्यार येवजणे अंतर्गत खंयच्याय दुसऱ्या विमोधारक व्यक्तीक वैजकी लावाची

  सुविधा उपलब्ध करपाक ताका फॉर्म -86 त एक 'रोजगार प्रमाणपत्र' जारी करूंक जाय. नियोक्तान जारी केल्लें हें

  प्रमाणपत्र 3 म्हयने वैध आसता. तें फुडल्या 3 म्हयन्यां खातीर परत वैध करपाक शकता.

- लग्न, जल्म वा मरण सारकिल्ल्या गजालींचें विमोधारक व्यक्तीच्या कुटुंबीक तपशिलांत जोडणी वा वगळावणी जाल्यार

  आवश्यक माहितीक ईएॅसआयसी वॅब पोर्टलाचेर अपलोड करची.

- एकाद्र्या व्यक्तीच्या विमापात्र रोजगारांत परत प्रवेश केल्यार वा, जंय विमोधारक व्यक्ती योगदान परत ना केल्ल्यान वैजकी लाव घेवपा खातीर पात्र थारिल्ली नियोक्ता अशे व्यक्तीक फॉर्म ईएॅयआयसी- 37 त ' पुर्न-रोजगार

प्रमाणपत्र' वा 'निरंतर रोजगार' जारी करूंक शकता. ह्या प्रमाणपत्राक लागून विमोकृत व्यक्तीक तें जारी केल्ल्या तारखे सावन वैजकी लाव घेवंक मेळटलो.

- विमोकृत कर्मचाऱ्याक खंयच्याय वैध कारणांक लागून दवाखानो बदलपाची गरज आसल्यार, नियोक्ता ईएॅसआसी वॅब
  पोर्टलांतल्या ड्रॉप डावन वळेरिंतल्यान दवाखानो बदलूंक शकता.
- जेन्ना विमोकृत व्यक्ती ड्युटीचेर वा सुटयेर स्टेशना भायर वता, तेन्ना ईएॅसआयसी 105 फॉर्मांत प्रमाणपत्र जारी करूं येता.

  हाका लागून ताका आनी ताच्या कुटुंबाक हेर कडेन आशिल्ल्या ईएॅसआय दवाखानो/ हॉस्पिटलांत वैजकी उपचाराचो लाव घेवंक मेळटलो, जर अशा भायले सुवातेर उपलब्ध आसल्यार.
- नियोक्ता एकल्या कर्मचाऱ्याक, ईएॅसआय येवजणे अंतर्गत खंयच्याय कायदेशीर लावाचो दावो करपा खातीर, मजत वा

  मार्गदर्शन करूंक शकता, आनी तशेंच येवजणे अंतर्गत तांच्या हक्क आनी जापसालदारक्यां विशीं तांकां योग्य रितीन शिक्षीत करूंक शकता.

- एखाद्र्या अप्रीय घटनेक लागून वेतन वा कमायेची क्षमता उणी जाल्यार ईएॅसआय येवजणेची उपयुक्तता कर्मचाऱ्यांक समजावन सांगूंक शकता.
- ईएॅसआय अधिनेमा अंतर्गत तुमचे अधिकार आनी जापसालदारक्या बद्दल खंयच्याय दुबावाच्या स्पश्टीकरणा खातीर, स्वयंघोशीत सल्ल्लागार वा हेर खंयच्याय अनधिकृत व्यक्तीच्या सल्ल्याचेर निंबून रावनासताना एखाद्र्या ईएॅसआय अधिकाऱ्याच्या संपर्कांत रावपाचो सल्लो दिता.

**<u>नियोक्तांचे अधिकार</u>**

- ईऍसआय म्हामंडळ, मॅडिकल बॅनेफीट कावन्सील आनी म्हामंडळाच्या हेर म्हत्वाच्या समित्यांचेर

प्रतिनिधित्व करप,

जे वेळवार तयार जावंक शकतात.

- ईऍसआय अधिनेमा अंतर्गत दायित्वाक पुराय करपा खातीर अपेक्षीत फॉर्माची पुर्तताय करप.
- विमोकृत व्यक्तीच्या पगारांतल्यान त्याच वेळार कर्मचाऱ्यांच्या अंशदानाच्या वाट्याची वसुली करप.

दाव्याच्या

विवादाच्या बाबतींत ईऍसआयच्या अपिलीय प्राधिकारिणीक अपील करप.

- अपिलीय प्राधिकारिणीच्या निश्कर्शाचेर संतुश्ट नासल्यार कर्मचारी विमो न्यायालयांत अपील करप.
- वेवस्थापना वरवीं प्रदान केल्ले लाव जर ईऍसआय येवजणे अंतर्गत प्राप्त लावाच्या बरोबरीचे आसल्यार वा

बरे

आसल्यार ते स्थितींत येवजणेच्या योग्यतायेतल्यान सूट प्राप्त करपाचो अधिकार.

- अधिनेमाची प्रयोज्यता, लाव, अंशदान, निरीक्षण आनी हेर प्रक्रियां संबंदीत सगळ्यो अनिवार्य

सुचोवण्यो प्राप्त

करपाचो अधिकार.

## नियोक्तांच्या सेवेंत ईएॅसआयसीची भुमिका

- नियोक्तां वांगडा उत्तरदायी, उद्देशपूर्ण आनी सृजनशील संबंद विकसीत करप.
- ईएॅसआय येवजणेंत सुदारणां करपाक तांचो सक्रीय सहभाग मेळोवप.
- ईएॅसआय अधिनेमा अंतर्गत तांचें वैध दायित्व प्रदान करपाच्या हेतून आवश्यक मार्गदर्शन दिवप.
- तांका अपेक्षीत आशिल्लें फॉर्म आनी प्रपत्र वेळवार उपलब्ध करून दिवप.
- आयएॅमओ/पॅनल दोतोरांनी दिल्ल्या खंयच्याय शिथील वैजकी प्रमाणपत्राक लागून कारखान्याची वा आस्थापनाची उत्पादकता उणी जावची ना हाची खात्री करप.

- खंयचीय अडचण, दुबाव वा गैरसमज आसल्यार, नियोक्त्याक योग्य पावंड्यार आयकुपाची संद मेळटा हाची खात्री करप.
- नियोक्त्या कडल्यान येवपी सगळ्या पत्रवेव्हाराक वेळेर आनी निश्पक्षपणान प्रतिसाद दिता हाची खात्री करप.
- जाग्याची वा नियोक्त्याच्या नोंदीची तपासणी करपाक अधिकृत आशिल्ल्या म्हामंडळाचो खंयचोय अधिकारी नियोक्त्याक त्रास दिवचो ना हाची खात्री करप.
- नियोक्त्या कडल्यान प्राप्त जाल्ल्या खंयच्याय कागाळीच्या जलद निवारणा खातीर त्वरीत दखल घेतात वा ना हाची खात्री करप.

**<u>जाळवणदार / ग्राहकांची वळेरी</u>**

| अनु क्र. | जाळवणदार / ग्राहकांची |
|---|---|
| | |

| | |
|---|---|
| 1 | केंद्रीय मंत्रालयां / विभाग |
| 2 | राज्य सरकार / संघ प्रदेश प्रशासन |
| 3 | ईऍसआय अधिनेमा चालीक लायिल्ल्या क्षेत्रांत चलपी आनी 10 वा ताचे परस चड कर्मचारी आशिल्ले युनिट |
| 4 | अंमलबजावणी केल्ल्या क्षेत्रांत काम करपी आनी म्हयन्याक रू. 21,000/- पगार मेळोवपी सगळे कामगार |
| 5 | विमो केल्ल्या व्यक्तीच्या कुटुंबांतले सगळे वांगडी/ आश्रितजन |
| 6 | सगळे सामुग्री आपुर्तिकर्ते/सेवा प्रदाते |
| 7 | सगळीं श्रमीक संघ संघटणां (ऑल ट्रेड युनियन ऑर्गनायजेशन) |
| 8 | सगळे नियोक्ता संघ (ऑल ऍम्प्लॉलयर असोसिएशन) |

**<u>उत्तरदायित्व केंद्र आनी अधिनस्थ संघटणां</u>**

| अनु. क्र | **उत्तरदायित्व केंद्र आनी अधिनस्थ संघटणां** | **दूरध्वनी क्रमांक** | **ई-मेल** | **पत्तो** |
|---|---|---|---|---|
| 1 | सगळे ईएॅसआयसी क्षेत्रीय संचालक | अधिकृत संकेतथळ www.esic.nic.in चेर माहिती उपलब्ध आसा | | |
| 2 | सगळे संचालक, ईएॅसआयसी उप-क्षेत्रीय कार्यालय | अधिकृत संकेतथळ www.esic.nic.in चेर माहिती उपलब्ध आसा | | |
| 3 | सगळे वैजकी अधिक्षक, ईएॅसआयसी हॉस्पीटल | अधिकृत संकेतथळ www.esic.nic.in चेर माहिती उपलब्ध आसा | | |
| 4 | सगळे वैजकी अधिक्षक, ईएॅसआयसी हॉस्पीटल | अधिकृत संकेतथळ www.esic.nic.in चेर माहिती उपलब्ध आसा | | |
| 5 | सगळे ईएॅसआयसी वैजकी/पदव्युत्तर शिक्षणीक | अधिकृत संकेतथळ www.esic.nic.in चेर माहिती उपलब्ध | | |

| | | |
|---|---|---|
| | संस्था | आसा |
| 6 | सगळी वखदालयां आनी शाखा कार्यालयां/ शाखा कार्यालयां, ईऍसआयसी | अधिकृत संकेतथळ www.esic.nic.in चेर माहिती उपलब्ध आसा |
| 7 | सगळीं ईऍसआयसी वखदालयां | अधिकृत संकेतथळ www.esic.nic.in चेर माहिती उपलब्ध आसा |
| 8 | सगळीं ईऍसआयसी वखदालयां | अधिकृत संकेतथळ www.esic.nic.in चेर माहिती उपलब्ध आसा |